Panaji Regional 18th April 2025 7.25am

रश्मि 90

नॅशनल हेराल्ड प्रकरणात पयशे लुटपाचो आरोपा वेल्यान कॉंग्रेस पक्षाचे फुडारी सोनिया गांधी आनी राहुल गांधी हांचे आड आरोप पत्र दाखल केला. हे फांटभुयेंर कॉंग्रेस पक्षान सध्या देशभर अंमलबाजवणी संचालनालया सामकार आंदोलन करप सुरु केल्या कृतीचो भारतीय जनता पार्टीन निशेध केला. काल भाजप मुख्यालयात घेतिल्या पत्रकार परीशदेत गोंय भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी गोंय कॉंग्रेस प्रदेश समितीन गोंयच्या अंमलबजावणी संचालनालया सामकार केल्या आंदोलनाचो निशेध केला. तशेंच नॅशनल हेराल्ड प्रकरणात कॉंग्रेस कशी घुसपिल्ली आसा ताची म्हायती लोकांक पत्रका वाटुन करतले अशे म्हणला. गुन्हायवकारी विशयाचे लोकांची दिशाभुल करपाक कॉंग्रेस राजकारण करता असोय आरोप तांणी केला.

रश्मि 85

भारतीय जनता पार्टीच्या युवा मोर्चान आयज पणजे नॅशनल हेराल्ड प्रकरणात कॉंग्रेस फुडाऱ्यांचो आसपाव आशिल्याखातीर ह्या फुडाऱ्यांचो निशेध करपी मोर्चो काडलो. ह्यावेळार कॉंग्रेसीचे फुडारी राहुल गांधी हांचो पुतळो पणजे कॅाग्रेस हावसा सामकार आशिल्लया रस्त्याचेर लासलो. कॉंग्रेस हो घोटाळेबाज आनी भ्रस्टाचारी पक्ष असो आरोप भाजपाच्या कार्यकत्यांनी केला. 2012 वर्सा जाल्ले नॅशनल हेराल्ड प्रकरणत मनी लोड्रींग, तशेच इनकम टॅक्स चुकोवप, तशेंच मालमत्ता हडप करपाचो गैरवापर आशिल्याचो आरोप युवा मोर्चाचे अध्यक्ष समीर मांद्रेकार हांणी केला. ह्यावेळार सिदार्थ कुंकळ्येकार, सिद्धेश नायक, बाप्पा कराडे, तशेंच भाजप युवा मोर्चाचे कार्यकर्ते व्हडा आकड्यान हाजीर आशि्लले.

VHP – 90

विश्व हिंदू परिषद, गोमंतक प्रदेश वतीनं पत्रकार परिषद घेतली. पत्रकार परिषदेस विश्व हिंदू परिषदचे केंद्रीय संघटन महामंत्री मिलिंद परांडे, गोवा प्रदेश विभाग मंत्री, मोहन आमशेकर, केंद्रीय समिती उपाध्यक्ष अशोक चौगुले, आणि मडगावचे प्रवास नायक हाजीर आशिल्ले. पश्चीम बंगालात वक्फ बोर्ड दुरूस्ती विधेयका वेल्यान हिंदूचेर हिंसाचाराची पातळी पळोवन पश्चिम बंगालात बेगोबेग राष्ट्रपती राजवट लागू करची ह्या मागणीखातीर १९ एप्रीलक विश्व हिंदू परिषदेच्या वतिन पुराय देशभरात जिल्हो पांवड्यार निदर्शना करून राष्ट्रपती द्रोपदी मुर्मू हांका निवे्दन सादर करतले अशी माहिती विश्व हिंदु परिषदेचे केंद्रीय महामंत्री मिलिंद पारांडे हाणी मडगावात पत्रकार परिषदेत उलयतना दिली.

रश्मि 90

गोवा कोयर वेवस्थापन म्हामंडळ 23 एप्रीलाक वेगवेगळ्या खात्यांतल्या 142 पोरण्या वाहनांची पावणी करतले. पर्वरे पुलिस क्वार्टसा लागसार सकाळी 10 वराचेर ही पावणी गाडयो आसा त्या परीस्थितीन विकपाच्या तत्वाचेर जातली. 15 वर्सां सकयल्यो 14 गाडयो आनी 15 वर्सा वयल्यो 128 गाडयो स्क्रेपाक ह्या पावणेत विकतले. स्क्रेप वेवसायिक नोंदणीकृत आसप गरजेचे अशे गोवा कोयर वेवस्थापन म्हामंडळान कळीत केला. ह्या पयली मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी अशा गाडयांचो लिलाव करपाचो निर्णय जाला अशी म्हायीती दिल्ली.

रश्मि 90

13 एप्रीलाक पुरूष नाटका वेळार कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकर सभाघरात लायटीच्या तंत्रीक बिघाडा खातीर आडमेळ आयल्या हे वीशी आपणे कला अकादमीच्या सदस्य सचीवा कडल्यान दोन दीसा भितर अहवाल मागयील्लो,लायटीगांची चांचणी केल्या उपरांत LED लायटीत तंत्रीक बिघाड जाल्याचे स्पश्ट जाला अशी म्हायती गोविंद गावडे हांणी काल कला अकादमीत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार दील्या. कला अकादमीची लायटींग वेवस्था सध्या defect liablity period चेर आसा.ताका लागुन भौशीक बांधकाम खात्यान हो तंत्रीक बिघाड दुरूस्त करचो असो आदेश दीला.

Weather – 35

गोय वेधशाळेनं उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज गोयांत चंदन चड तापमान ३५ degrees celcius आनी उण्यात उणे २७ degrees celcius इतले आसतले.

IPL –

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती मुंबयत वानखेडे स्टेडियमात जाल्ल्या खेळात मुंबई इंडियन्स पंगडान सनरायझर्स हैदराबाद पंगडाक चार गड्यांनी हारयले. आयज रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू पंजाब किंग्ज पंगडा आड खेळतलो.